**Akashvani Panaji Goa Regional Bulletin 7.25am 28.06.24**

**STORY**

**गोवा/५१७४५ सुक्षीम आनी ल्हान उद्देग (MSME) नौद जानायच्या पर्यटन मळार जीं उत्पादनां जाय, MSME तांची पुरवण एमएसएमई वरवी करपाक शकतात. हाका व्हेजकांनी साथ दिवची, असो उलो मुखेलमंत्री काल डॉ प्रमोद सावंत हांणी उद्देग खात्या वतीन आयज सारीक सुक्षीम आनी ल्हान उद्देग दिसाचें आयोजन केवल मायर्यावळी वेळार मारलो.**

**है काविळीक मुखेलमंत्र्या सयत ऊद्देग मंत्री माविन गुटिनी, गोय उद्देगीक विकास महामंडळाचे अध्यक्ष तशेप आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स, खात्याची सचि । स्वेतिका सचन, हेर जेश्ठ अधिकारी तशेंच उद्देग क मळावेल्यो संघटना, उद्देजक व्हडा प्रमाणांत हाजीर भाशिल्ले. हे कार्यावळींत एमएसएमईत नवे उद्देग MSME सुतयाक तीन नव्यो येवजण्यो सुरु केल्यात.**

**बायलाच्या स्वयंसाहय गटां खातीर आयज जिल्हो पांवटार केंद्रा स्थापन केल्या. गांवांत रावन आपली उत्पा खपोवपा वांगडा ह्या केंद्रां कडेन जोडून आपल्या ल्हान उद्देगांची उदरगत करून घेवची, असो उत्ता मेलमनी डॉ. सावंत हांणी मारलो.**

**नियंत्रण मंडळ : 180**

**पोल्ट्री, गोशाळा, लाँड्रीक प्रदुशण नियंत्रण मंडळा कडल्यान आता घेवची पडटली मान्यताय हेर उद्देगां सयत आता वॉशिंग सेंटर, पोल्ट्री, बेकरी, पार्टीची थळां, गोशाळा हांकांय हवा आनी उदक प्रदुशण प्रतिबंध आनी नियंत्रण कायद्याखाला प्रदुशण नियंत्रण मंडळाची मान्यताय घेवप बंधनकारक आसा. मान्यताय घेतली ना, जाल्यार नेम मोडपाच्या कारणा खातीर संबंधीत आस्थापनां बंद करपाचे**

निर्देश जारी जातले, अशें प्रदुशण नियंत्रण मंडळान कळीत केलां. उदक (प्रदुशण प्रतिबंद आनी नियंत्रण) कायदो 1974 आनी हवा (प्रदुशण प्रतिबंद आनी नियंत्रण) कायदो 1981 खाला गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळा कडल्यान उद्देगांक/आस्थापनाक मान्यताय कसेंट टु ऑपरेट) घेवची पडटा. आता है। आस्थापनांक सुद्दा उदक आनी हवा कायद्या खाला मान्यताय घेवची पडटली. सव्हर्टीसिंग स्टेशन्स, वॉशिंग सेंटर्स, बेकरी, लाँड्री, पोल्ट्री (5 शल्या पालक हजारां परस चड पक्षी), पीठ आनी तांदळाच्यो 0 गिरणी, हॉटेल्स, गेस्ट हावज, बक्वेट हॉल, पार्टी estima son थळां, डेअर (15 परस चड जनावरां), निवासी संकुल (24 परस चड फ्लट), धुकर पालन (15) आरील्या शुका पालgion परस चड), भंगसाळी (सॉ मिल्स), गोशाळा, कायमा खाला मान्यताय घेवची पड कार्पेटरी युनिट, चिरे खणी (लटरायट क्वेरी) हे आस्थापनांक सुद्धा उरक ओनी हन ज्या आस्थापनां कडेन मान्यताय आसा (कंसेंट टु ऑपरेट) तांणी तपशील वाठारात प्रदर्शित करचो पडटलो. ज्या आस्थापनां कडेन मान्यताय ना, तांणी मान्यताये खातीर अर्ज करचे पडटलें, अशें प्रदुशण नियंत्रण मंडळान कळीत केलां.

विद्यार्थी संवाद : 85

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत शेनवारा २९ जूनाक दिसा राज्यातल्या उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांकडेन आनी शिक्षकांकडेन थेट संवाद सादतले. स्वयंपूर्ण माँवा कार्यावळ नेटान मुखार व्हरपा खातीर 'करीयर मार्गदर्शन आनी शिश्यवृत्ती 'ह्या विशयांचेर मुखेलमंत्री गोंय भरांतल्या विद्यार्थ्यांकडेन आनी शिक्षकां कडेन ऑनलायन लायव्ह संवाद सादतले. २९ जूनाक सकाळी साडे धा वरांचेर ही लायव्ह कार्यावळ सगळ्या उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी प्रक्षेपीत करची अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी मागलां. ह्या कार्यावळींत मुखेलमंत्री डॉ.

प्रमोद सावंत हांचे सयत उच्च शिक्षण संचालक भूषण सावईकर तशेंच करीयर तज्ञ विद्यार्थ्यांक आनी शिक्षकांक मार्गदर्शन करतले.

राय 180

दामोण रायच्या लोकांचे वसणुकैतलें उदक / व्हांवून वचपाची परंपरीक वाट बंद केल्ल्यान बिरेस्तारा सकाळीं कांय घरांनी उदक घुसलें. आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड हांणी दक्षीण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालया कडेन हो विशय आडकून आशिल्ल्यान जिल्लोधिकाऱ्यान आदेश जारी केल्या उपरांत रोखडीच उदकाक वाट मेकळी करून दितले अशें स्पश्ट केलें. राय हांगच्या दामोण पश्चिम भागांतल्या पल्लवी वेरेंकार आनी हेर थळाव्यांच्या घरांनी बिरेस्तारा उदक घुसलें. पावसाचे सुरवातेकूय उदक घुशिल्लें. मात पावसाचें प्रमाण उणें आशिल्ल्यान घरांनी उदक पावूक नाशिल्लें. हांगा एका थळाव्यान उदक व्हांवून वचपी परंपरीक वाट मातयेची रास घालून बंद केल्या असो दावो दामोण रायच्या थळाव्यांनी केला. उदक व्हांवून वचपाची वाट मेकळी करपा खातीर पंचायत, जिल्लोधिकारी कार्यालय, आमदार ह्या सगळ्यां कडेन मागणी करून लेगीत कसलीच कारवाय जावंक ना. आतां घरांनी उदक घुशिल्ल्यान हाका लागून भलायकेची समस्या निर्माण जावपाची शक्यताय थळावे उक्तायतात. आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड हांणी, दामोण राय हांगा फाटल्या कांय वर्सां सावन उदक आडकून उरता. दक्षीण गोंय जिल्लोधिकारी कार्यालयांत हें उदक व्हांवून वचपाची परंपरीक वाट मेकळी करपाचे आदेश दिवपाची मागणी केल्या. गरजेची सगळी प्रक्रिया पुराय जाल्या. उपजिल्लोधिकाऱ्या कडल्यान परवानगी मेळ्ळे उपरांत आपूण कामगार घालून उदकाची वाट मेकळी करतलों अशें आस्वासन आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड हांणी दिला.